Panaji Regional 17th August 2025 7.20pm

PM DELHI PROJECTS - 150

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी 'व्होकल फॉर लोकल' हाजेर भर दित लोकांक भारतांत तयार केल्लीं उत्पादनां विस्वास दवरून विकती घेवपाचे आवाहन केले. आज नवी दिल्लीत सुमारे ११,००० कोटी रुपयांच्या दोन प्रमुख राष्ट्रीय महामार्ग प्रकल्पांचे उक्तावण केले. त्या वेळार ते उलयताले. प्रधानमंत्री मोदी हाणी देशाक घटमूट करपाक आनी ताका आत्मनिर्भर करपाक चरखाधारी मोहन हाणी दाखयल्ल्या मार्गाचे अनुसरण करपाक जाय अशे सांगले. फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणांक लागून देशांतल्या लोकांक दोट्टी फायदे जातले अशेंय तांणी सांगलें.

द्वारका एक्सप्रेसवे आनी यूईआर-II च्या दिल्ली विभागाचें उक्तावण जाल्ल्यान एनसीआरत कनेक्टिव्हिटीत एक नवो ट्प्पो गाठटलो अशे मोदी हाणी ह्या वेळार उलयतना म्हळें. दिल्ली एनसीआरांतल्या लोकांक हाचो खूब फायदो जातलो आनी प्रवासाचो वेळ वाचतलो अशें तांणी सांगलें. आपल्या सरकारा खातीर सुदारणा म्हणल्यार सुशासनाचो विस्तार अशें प्रधानमंत्र्यानि सांगलें.

दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हाणी सगल्या दिल्लीच्या लोकां वतीन प्रधानमंत्री मोदी हांचे उपकार मानले.

दिल्ली आनी ताचे भोंवतणच्या वाठारांनी कनेक्टिव्हिटीत लक्षणीय सुधारणा करप, प्रवासाचो वेळ उणो करप आनी येरादारी सुलभ करप हो ह्या प्रकल्पांचो हेत आसा.

EC – 215

वेंचणूक आयोगान आयज सांगलें कि, ताचे खातीर सगळे पक्ष समान आसात आनी राजकी पक्षां मदीं भेदभाव करिना. आज दनपरा  नवी दिल्लीत माध्यमां कडेन उलयतना मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी सांगलें, वेचणूक आयोग तांच्या संवैधानिक कर्तव्यापासून केन्नाच फाटी सरचो ना. कांय जाण दुहेरी मतदानाचो आरोप करतात, पूण पुरावो मागल्यार कायच जाप मेळना अशें  कुमार हांणी सांगलें. अशा खोट्या आरोपांक वेंचणूक आयोग वा खंयचोच मतदार भियेना अशी टिप्पणी तांणी केली.

वेंचणूक आयोग गरीब, गिरेस्त, जाण्टे, बायलो, तरणाटे सयत सगळया वर्गांतल्या आनी सगळया धर्मांतल्या मतदारां  बरोबर कसलोच भेदभाव करिनासतना निर्भयपणान उबो रावतलो  अशें आयोगान स्पश्ट केलां. लोकसभा वेंचणुके वेळार एक कोटी परस चड सरकारी कर्मचारी, 10 लाखां परस चड बूथ-लेव्हल एजंट आनी उमेदवारांचे 20 लाखां परस चड मतदान एजंट हे प्रक्रियेचो भाग आशिल्ले अशें  कुमार हांणी सांगलें. इतल्या लोकां मुखार अशे पारदर्शक प्रक्रियेंत मतां कशीं चोरूं येतात तें जाणून घेवपाचो तांणी यत्न केलो.मतदार वळेरेंतल्यो चुको सुदारपाची मागणी सगले राजकी पक्ष करतात अशें मुखेल वेंचणूक आयुक्तान सांगलें. बिहारा सावन विशेष गहन पुनरीक्षण - एसआयआर मोहीम सुरू जाल्या आनी वेंचणूक वळेरेचो मसुदो तयार केला अशें तांणी सांगलें. थारायिल्ल्या काळांत मतदार वळेरेंतल्या मसुद्यांतल्यो चुको सुदारपा खातीर सगले मतदार आनी राजकी पक्ष योगदान दितात अशें तांणी फुडें सांगलें. जेन्ना बिहाराचे 7 कोटी परस चड मतदार वेंचणूक आयोगा वांगडा उबे आसात तेन्ना ताचे विस्वासपात्रतेचेर प्रश्नचिन्ह उपस्थित करूंक मेळना अशें वेंचणूक आयुक्तान म्हळें.

## Konkan Railway Verna – 110

गिरायकांच्या मागणीचो आदर करून कोंकण रेल्वेन कोलाड ते नंदगांव रोड आनी वेर्ना मार्गाचेरकार वाहतुकी खातीर रोल ऑन/रोल ऑफ (रो-रो) सेवेच्या नोंदणीची निमाणी तारीक वाडोवपाचो निर्णय घेतला. सुरवेक नोंदणी करपाची निमाणी तारीक 18 ऑगस्ट थारायल्ली.पूण संभाव्य गिरायकां कडल्यान नोंदणी खातीर अतिरिक्त वेळाची मागणी पळोवन कोंकण रेल्वेन ही तारीख 20 ऑगस्ट

मेरेन वाडोवपाचो निर्णय घेतला. ही रो-रो सेवा कोंकण मार्गाच्या मुखेल सुवातींनी वाहनांची सुरक्षीत आनी सुटसुटीत वाहतूक सुनिश्चीत करता. हाका लागून रस्त्यांचेर गर्दी उणी जाता आनी प्रवासाची सोय वाडटा.

ह्या वाढीव मुदतीचो लाव घेवन इत्सूक गिरायकांनी नोंदणी प्रक्रिया पुराय करची अशें आवाहन कोंकण रेल्वेन केलां. सविस्तर नेम आनी अटी तशेंच नोंदणी प्रक्रिया खातीर गिरायकांक www.konkanrailway.com अधिकृत संकेतथळाक भेट दिवपाची विनंती केल्या.

BJP – 50

गोय भाजपाची राज्य संघटनात्मक कार्यशाळा आयज मापसा, उत्तर गोंय जिल्लो कार्यालयांत सुरू जाल्या.

भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक, राष्ट्रीय उपाध्यक्ष सुश्री डॉ सरोज पांडे, आनी राज्यसभा खासदार  सदानंद शेत तनावाडे हांणी वरिश्ठ फुडारी & कार्यकर्तां हांच्या हाजिरेंत उक्तावण केलें. संघटना & रणनिती घटमूट करपा खातीर राज्य पदाधिकारी & मंडळ अध्यक्षां वांगडा दीसभराचें सत्र.

Rashmi – 120

गोय राज्य चित्रपट महोत्सवाचो समारोप सुवाळो आयज पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकार सभाघरात  आयज जालो. गोय म्हायती आनी प्रसिद्धी खाते तशेच गोंय  मनरीजवण संस्थेच्या जोडपालवान अंदु  10,11,12  व्या ह्या गोंय राज्य चित्रपट महोत्सवाचे आयोजन केल्ले.
गोंयात सिनेमांच्या चित्रीकरणाखातीर लागपी सगळे परवाने दीवपाची  प्रक्रीया सोपी करपाच्या हेतान  1 september सांवन single window system

clearance system चालीक लायतले अशी म्हायती गोंय मनरिजवण संस्थेची उपाध्यक्षा डीलायला लोबो हीणे ह्यावेळार दील्या.

ह्यावेळार सिनेमा मळावेल्या वेगवेगळ्या पांवड्यावेल्या इनामा भेटोवपाची कार्यावळ जाली.

ह्यावेळार गोंय मनरीजवण संस्थेचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी आश्वीन चंद्रु, गोय म्हायती आनी प्रसिद्धी संचालनालयाचे संचालक दीपक बांदेकार हाजीर आशील्ले. महोत्सवाक मानाची सोयरी म्हण नामनेची मराठी अभिनेत्री वर्शा उजगांवकार, तशेंच नामनेचे चित्रपट दीग्दर्शक गजेंद्र अहीरे तशेंच सिनेमा मळावेले हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

Subhash – 95

विद्यार्थ्यांच्या शिक्षणाखातीर लागपी मजत दिवपाक सदांच आपूण मुखार आसतलों अशें वीज मंत्री सुदिन ढवळीकर हांणी सांगले. ते आयज ढवळी फोंड्या द्रवीड ब्राह्मण संघान घडोवन हाडिल्या विद्यार्थी गुणगौरव सुवाळ्यांत उलयताले. धावी आनी बारावींत येस मेळयल्ल्या विद्यार्थ्यांनी तें यश तिगोवन दवरपा खातीर सतत प्रगती करची अशें ढवळीकर हांणी सांगलें. द्रविड ब्राह्मण संघान आपत्कालीन निधी तशेंच रिणाची शिश्यवृत्ती सामकीच उण्या व्याजदरान दिवपाचो यत्न करचो अशेंय तांणी सुचयलें. कार्यावळीचे सुरवेक द्रवीड ब्राह्मण संघाचे अध्यक्ष दिलीप ढवळीकार हांणी प्रास्ताविक केले. पुराय कार्यावळीचें सूत्रसंचालन ज्योत्सना वझे, उषा टेंगसे आनी दीपा मीरिंगकार हांणी केलें. ब्राह्मण संघाचे वांगडी दिलीप ढवळीकर हांणी सगळ्यांचे उपकार मानले.

Dahi handi – 50

राजधानी पणजेंत दही हांडी उमेदीन मनयली.शेनवारा सांजवेळा राजधानी पणजेंत वेगवेगळ्या सुवातींनी दही हांडी उमेदीन मनयली.

सांजवेळार बोक द वोक हांगाच्या साई देवळा लागसार आशिल्ली दही हांडी थळाव्या तरणाट्या पंगडान तीन थरांनी मोडली. ते उपरांत महालक्ष्मी देवळा

लागसार आशिल्ली दही हांडीय तीन थरांनी मोडली. दहीहंडी पळोवपाक थळाव्या लोकां वांगडाच पर्यटकांनिय गर्दी केल्ली.

Rain – 120

गोंयांत 17 आनी 18 ऑगस्टाक उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. ताका लागून ह्या दोन दिसां खातीर पावसाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. 19 ते 21 ऑगस्ट ह्या काळांत मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची शक्यताय आसा. ह्या तीन दिसां खातीर यलो अलर्ट जारी केला. शेनवारा गोंयांत किरकोळ पावसाची नोंद जाली. शेनवारा पणजे चडांत चड 30 अंश जाल्यार उण्यांत उणें 26 अंश सेल्सियस तापमानाची नोंद जाली. मुरगांवां चडांत चड तापमान 28 अंश आनी उण्यांत उणें तापमान 26.4 अंश सेल्सियस आशिल्लें. फुडलें स दीस गोंयांत चडांत चड तापमान 29 अंश जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 24 ते 25 अंश सेल्सियस आसपाची शक्यताय आसा. गोंयांत फाटल्या 24 वरांत सरासरी 0.81 इंच पावसाची नोंद जाली. गोंयांत 1 जून ते 16 ऑगस्ट ह्या काळांत सरासरी 86.77 इंच पावसाची नोंद जाली.